Aakashwani Panaji Regional 7.25 am 20 January 2025

कामगार आनी रोजगार मंत्री DR. मनसुख मांडवीया आयज नवी दिल्लींत अनौपचारीक क्षेत्रांतल्या कामगारांक औपचारीकीकरण आनी समाजीक सुरक्षेचो आवांठ ह्या विशयाचेर दोन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय परिसंवादाचें उक्तावण करतले. अनौपचारीक कामगारांक समाजीक संरक्षण वाडोवपाक भागधारकांची क्षमता वाडोवप हो ह्या परिसंवादाचो मुखेल हेत आसा. ह्या परिसंवादांत धोरण निर्माते, समाजीक सुरक्षा प्रशासक, आनी समाजीक सुरक्षा संघटनांचे तज्ञ एकठांय येतले.

---

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी 21 जानेवारीक गोंयांत भेट दिवन 2500 कोटी रुपया मोलाच्या चार म्हामार्ग विस्तार प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले. केंद्रीय मंत्र्यालयान हया चार प्रकल्पाक हालीच मंजुरी दील्या. राज्यांत जोडणी सुदारप आनी मुळावी बांदावळ वाडोवप हो प्रकल्पांचो हेत आसा. मडगांव ते काणकोण, मडगांव बायपास कडल्यान कंकळ्ळी मेरेच्या राष्ट्रीय म्हामार्ग एनएच 66 चो 7.2 कीलोमीटर लांबायेच्या रस्त्याच्या फोर लेनीखातीर 747 कोटी मंजुर जाल्ल्यात.मंत्र्यालयान बोर्डे ते काणकोण बायपास सुरु जायत मेरेन आनी काणकोण बायपासच्या शेवट ते कर्नाटकाच्या पोळे मेरेन 22.1 किलोमीटर लांबायेचो चारपदरी करपाखातीर 1,376 कोटी मंजुर करपाची घोशणाय केल्ली.21 जानेवारीक गडकरी एम ई एस कॉलेज जक्शन ते बोगामाळो जक्शनमेरेनच्या 455.5 कोटी खर्चाच्या 3.3 किमी फ्लाय ओवराच्या बांधकामाचो बुन्यादी फातर बसययतले. तशेंच सडा ते वेर्णापुरी ह्या मार्गार दाबोळी विमानतळार वचपाखातीर बांदिल्ल्या केबल स्टेड पुल आनी रस्तो आनी फ्लायओवर प्रकल्पाचे उक्तावण करतले.

---

गोवा रसायन शास्त्र शिक्षक संघटनेन घडोवन हाडिल्या २२ साव्या वर्सुकी अधिवेशनात जावपी शैक्षणिक कार्यावळींनी उच्च माध्यमिक शाळांतल्या शिक्षकांनी वांटेकार जावंचे अशें एस. सी. आर. टी. न मागलां. १ फेब्रुवारीक गोंय विद्यापीठ सभाघरात जावपी ह्या अधिवेशनांत - सौर ऊर्जा ,आनी हरीत रसायन शास्त्र अशा विषयांचेर जावपी चर्चा सत्रांनी शिक्षकांनी वांटो घेवंचो अशें राज्य शिक्षण प्रशिक्षण

संस्थेच्यो संचालक सरीता गाडगीळ हांणी उजवाडायल्या पत्रकांत म्हळां. अखिल गोंय रसायन शास्त्र शिक्षक संघटणेचे २०० परस चड शिक्षक वांगडी आसात. ओंदू ह्या संघटणेंक २१ वर्सां पुराय जातात. रसायन शास्त्र शिक्षकांचे प्रस्न समजून घेवन ते सोडोवप तशेंच रसायन शास्त्रांत रूच आशिल्ल्या सगळ्यांक म्हळ्यार शिक्षक , प्राध्यापक , उद्देजक , विज्ञानीक , संशोधक अशा सगळ्यांक एकठांय हाडपी एक माची म्हूण अखिल गोंय रसायन शास्त्र शिक्षक संघटणा नेटान वावुरता.

---

काक्र (कॅन्सर) दुयेसा सावन लोकांचे रक्षण करपाच्या हेतान सुरू केल्ली फिरत्या वॅनीवरवी काक्र तपासणी शिबिर शनवारा तुयें हांगा जालें. 121 बायलां आनी 91 दादले मेळोन 222 जाणांची तपासणी जाली. थानाच्या काक्राचे दुबावीत 13 बायलां जाल्यार थायरॉयड काक्राचो एक दुयेंती मेळ्ळो. अंदूच्या वर्साचे हे पयलेच काक्र तपासणी शिबीर आशिल्ले, अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली. गोंय वैजकी म्हाविद्यालय, दंत म्हाविद्यालय, पेडणे भलायकी केंद्र हांचे जोड पालवान काक्र तपासणी शिबीर जाले. गोंय सरकारान मोबायल वॅन वरवी काक्र तपासणेची मोहीम सुरू केल्या. दोतोर तशेच उपकरणा आशिल्ली ही वॅन तरेकवार भलायकी केंद्रांत वता आनी काक्रा खातीर दुयेंतींची तपासणी करता. काक्राचे जे दुयेंती मेळटा तांचेर फुडें उपचार जाता.

---

कुठ्ठाळे मतदार संघातल्या कुर्पावाडो हांगा झेड. पी. निधीतल्यान हातान घेतिल्ल्या पेवर्स घालवाच्या कामाची सुरवात झेड. पी. वांगडी मर्सियाना वाझ हांचे हस्तुकी जाली. ह्यावेळार उलयताना वाझ हाणी म्हळा, की त्या वाठारांतली पाय वाट फाटली २० वर्सा सांवन इबाडिल्ल्यान थाळाव्या लोकांक खूपच त्रास जाताले. पेवर्स घालपाचें काम फुडल्या दोन सप्तकां भितर पुराय जातलें. त्या उपरान्त आनिक १० लाख खर्च करून उदरगतीची कामां सुरू जातली

---

श्री गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठाधिश श्री विद्याधीशतीर्थ श्रीपाद वडेर स्वामीजी हांचें पर्वरी शाखा मठांत आयतारा आगमन जाले. स्वामींचो पर्वरी मठांत रावपाचो काळ 26 जानेवारी मेरेन आसतलो.

---